Akashwani Panaji 31st March 2026 National news 8.40 am

SITHARAMAN

ग्राहकांच्या माहितीची सुरक्षितता आणि गोपनीयता सुनिश्चित करपाक देशातल्यो बँको एका कडक कायदेशीर आणि नियामक चौकटीअंतर्गत काम करतात अशे लोकसभेत प्रश्नोत्तराच्या वरावेळार पुरवणी प्रश्नांक जाप दितना केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन हांणी म्हणले. भारतीय रिझर्व्ह बँकेन जारी केल्या 'नो your कस्टमर' (केवायसी) प्रणाली आणि मार्गदर्शक तत्वांप्रमाण, बँकांक ग्राहकांच्या माहितीची गोपनीयता राखप बंधन/कारक आसा अशे ताणी म्हळे Byte

IBC न डिसेंबर 2025 म्हणसर कंपनीक दिल्या तेक्या विशी उलयताना ताणी सांगले Byte

pm

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल Netherlands साचे प्रधानमंत्री Rob Jetten हांचे कडेन फोनावरवी संवाद सादलो. सोशल मिडियाचेर प्रधानमंत्र्यांनी आपल्या संवादांत भारत-नेदरलँड्स संबंद घटमूट करपाचे मार्गांचेर चर्चा केल्या अशें सांगलें. अर्दवायू, उदका प्रकल्प,हरित हायड्रोजन आनी टॅलेंट मोबिलिटी ह्या सारक्या वाठारांनी भागीदारीची क्षमताय ह्या चर्चेंत उक्तायल्या . अस्तंत आशियांतल्या परिस्थितीचेरूय दोनूय फुडाऱ्यांनी मतांचें आदान-प्रदान केल्ल्याचें प्रधानमंत्री मोदी हांणी नदरेक हाडलें आनी ह्या वाठारांत शांतताय आनी स्थिरताय परतून मेळोवपाचा गरजेचेर भर दिलो.

pm

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज गुजराताचा भोंवडेर आसतले . प्रधानमंत्री Vav-Tharad हांगा 19,806 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या उदरगत प्रकल्पांची बुन्यादी फातर बसयतले . प्रधानमंत्री वीज, रस्तो, येरादारी आनी म्हामार्ग आनी रेल्वे मंत्रालयाच्या 10,921 कोटी रुपयांच्या उदरगतीच्या प्रकल्पांची बुन्याद घालून राष्ट्राक समर्पित करतले . तशेंच गुजरात सरकाराच्या शार उदरगत, उदका संसाधन, उदका पुरवण, रस्ते आनी इमारती, जीआयडीसी, भलायकी आनी कुटुंब कल्याण, पर्यटन आनी आदिवासी उदरगत खात्याचे 8,8श्यायशी कोटी रुपयांचे उदरगतीचे काम प्रधानमंत्री सुरू करतले.

president

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज सावन बिहार आनी कर्नाटकाचा दौर्यार आसतlyo .तांच्या भेटीच्या पयल्या दिसा राष्ट्रपती बिहारांतल्या राजगीराच्या नालंदा विद्यापिठाच्या दीक्षांत सुवाळ्याक हाजीर रावतल्यो . फाल्यां कर्नाटकांतल्या तुमाकुरु हांगाच्या श्री सिद्दगंगा मठ हांगा डॉ श्री श्री शिवकुमार महास्वामीजीच्या 119व्या जयंतीक आनी गुरूवंदनाच्या उत्सवांत राष्ट्रपती हाजीर रावतल्यो.

shivraj

कृशी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी हरियाणा, उत्तर प्रदेश, आनी कर्नाटकांत रबी 2025-26 हंगामांत विक्रमी प्रमाणांत दाळ आनी तेलबियां मेळोवपा खातीर राज्य सरकारांच्या प्रस्तावांक मान्यताय दिल्या. ह्या खरेदी दर आदार येवजणे खाला शेतकारांक आपलीं पिकां कमी दरांत विकपाची सक्ती पसून सुटका मेळटली अशें कृशी आनी शेतकार कल्याण मंत्रालयान सांगलां.

हरियाणा, उत्तर प्रदेश, आनी कर्नाटक खातीर मान्यताय मेळिल्ल्या दर आदार येवजण प्रस्तावा वरवीं उण्यांत उणें आदारबुत मोल एमएसपीचेर चणे, मसूर, मोसंबी, आनी कुसुमसारकिल्या म्हत्वाच्या दाळ आनी तेलबियाच्या पिकांची बरी वेवस्थापन केल्ली खरेदी सुनिश्चीत जातली अशें म्हणलां.

film

सात दिसांचा आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सव दिल्ली 2026 नवी दिल्लीच्या भारत मंडपांत समापन आयज सोपलो. काल महोत्सवाचो समारोप सुवाळो दिल्लीचो उपराज्यपाल तारंजीत सिंग संधू, मुख्यमंत्री रेखा गुप्ता आनी पर्यटन आनी संस्कृती मंत्री कपिल मिश्रा हांच्या हाजिरेंत आयोजीत केलो. ह्या संदर्भार उलयतना दिल्ली एलजीन सिनेमाच्या परिवर्तनकारी शक्तीचेर भर दिलो आनी खोलायेन वैयक्तीक कथा संस्कृताय शिमे पार प्रतिध्वनीत जावंक शकतात अशें सांगलें. मजगतीं, देशांतल्या आनी संवसारांतल्या उदेंते वाठाराच्या कलाकारांक आनी सृजनशीलांक आपली प्रतिभा दाखोवपा खातीर फिल्म फेस्टिवल हें एक बळिश्ट माध्यम जाला अशें दिल्लीच्यो मुखेलमंत्री रेखा गुप्ता हांणी सांगलें.mahavir 92

भारत हिंसाचार -

दक्षिण लेबनानांतल्या संयुक्त राश्ट्रांच्या शांतताय राखणदारांचेर, हालींच जाल्ल्या हल्ल्याचो भारतान निशेध करून, शांतताय राखणदारांची सुरक्षीतताय हें मुखेल प्राधान्य आसपाक जाय, हाचेर भर दिला. शांततायेची राखण करपी, कठीण परिस्थितींत वावुरतात आनी संघर्श जावपी वाठारांनी संयुक्त राश्ट्रांच्या आदेशाच्या आदरार तैनात करतात, अशें संयुक्त राश्ट्रांतले भारताचे प्रतिनिधी हांणी सांगलें. संयुक्त राश्ट्रांच्या लेबाननांतल्या अंतरीम दळान कळयल्ल्या घडणुके उपरांत हें निवेदन आयलां, जंय संयुक्त राष्ट्रांच्या सुवातेर दोन शांतताय राखणदारांक मरण आयला. आनी दुसरो गंभीर जखमी जालो. ह्या हल्ल्याचो संवसारीक

निशेध करपाक सामील जावन, भारतान संयुक्त राष्ट्रांच्या कर्मचाऱ्यांची सुरक्षीतताय सुनिश्चीत करपाचो उलो सगळ्या पक्षांक मारला.

Mahavir

महावीर जयंती, 24 वी आनी निमाणे जैन तीर्थंकर भगवान महावीराची जयंती आयज देशभर मनयतात. महावीर जयंती हो जैन समाजात एक बरो दीस मानतात. भगवान महावीराचे अनुयायी प्रार्थना जप करून, प्रसाद अर्पण करून आनी रथ मिरवणुकांनी वांटो घेवन हो उत्सव मनयतात. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी महावीर जयंती निमतान देशांतल्या लोकांक, खास करून जैन भाव-भयणींक परबीं दिल्यांत. भगवान महावीराचीं अहिंसा, सत्य , अस्टेय , ब्रह्माचार्य आनी अपरिग्रह हीं पांच तत्वां - सगळ्यांक जिणेंत योग्य मार्गाचेर चलपाक प्रेरीत करतात अशें राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी आपल्या संदेशांत सांगलें.

Census

जनगणना 2027 च्या पयल्या पांवड्यार सरकारान 33 प्रस्नांची वळेरी अधिसुचोवणी दिल्या.नवी दिल्लींत पत्रकार परिशदेंत उलोवप करतना भारताचे महानिबंधक आनी जनगणना आयुक्त मृत्युंजय कुमार नारायण हांणी जनगणना दोन पांवडयनी जातली अशी म्हायती दिली. पयल्या पांवड्यार घरांचे सर्वेक्षण करतले. राज्यांनी आनी संघराज्यांनी निमाणो थारायिल्ल्या वेळापत्रका प्रमाण पयलो पांवडो 1 एप्रील ते 30 सप्टेंबर ह्या काळांत जातलो अशें तांणी सांगलें. अंदू 1 एप्रिल ते 31 ऑगस्ट ह्या काळांत स्वताची गणना करपाची सुविधा 15 दिसांच्या काळांत जातली आनी राज्य आनी संघराज्यांत वेळापत्रक वेगवेगळें आसतलें अशें आयुक्तान नदरेक हाडलें. दरेका राज्य आनी संघराज्यान स्वताची गणना केल्या उपरांत 30 सप्टेंबर मेरेन 30 दिसांच्या काळांत घरांचे सर्वेक्षण कार्यावळी जातल्यो अशें तांणी सांगलें.

स्वताची गणना पोर्टल 16 भाशांनी उपलब्ध जातली अशेंय तांणी नदरेक हाडलें. पयल्या पांवड्याचे प्रस्न पयलींच कळयल्यात, आनी दुसऱ्या पांवड्याचे प्रस्न वेळार उजवाडायतले अशी म्हायती तांणी फुडें दिली. जनगणनेच्या दुसऱ्या पांवड्यार जातीगणना करतले अशेंय नारायण हांणी सांगलें

Karmayogi

मिशन कर्मयोगी, जाका नॅशनल प्रोग्राम फॉर सिव्हिल सर्विसेस कॅपेसिटी बिल्डिंग अशेंय म्हण्टात, हो सरकाराचो एक मुखेल उपक्रम आसून ताचो हेतू सतत शिकप आनी क्षमताय आदारीत प्रशिक्षणांतल्यान नागरी सेवांनी सुदारणा करपाचो आसा. ह्या उपक्रमाचो भाग म्हणून साधना सप्तह ही सप्तकाभर चलपी क्षमता निर्माण कार्यावळ 2 ते 8 एप्रील मेरेन जातली

imd

भारतीय हवामान खात्यान आयज अरुणाचल प्रदेश, आसाम, मेघालय,सिक्किम, केरळ, माहे , हिमालयांत आनी अस्तंत बंगालात व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास उक्तायला

Sports

भारतांतल्या शीतल देवीक वर्ल्ड आर्चरीन ‘para आर्चर ऑफ द ईयर’ अशें नामांकन फाव जाला .